प्रादेशिक खबरो   २९०८२०२५ @ 7.25 am

PMJDY – 70

प्रधानमंत्री जनधन येवजनेक ११ वर्सां पुराय जाली ही जगातली सगळ्यांत व्हड आर्थिक समावेशन उपक्रमांपैकी एक आसा.

**BYTE**

ह्या निमतान केंद्रीय अर्थ आनी कॉर्पोरेट वेव्हार मंत्री  निर्मला सीतारमण हांणी आपल्या संदेशांत म्हळां अर्थीक समावेशन हो आर्थिक वृद्धि आनी उदरगतीचो एक मुखेल चालक.  केंद्रीय वित्त मंत्र्यांनी सांगले, कि PMJDY प्रत्यक्ष लाभ हस्तांतरण (डीबीटी) चो उपेग करून वेग वेगळ्या येवजना अंतर्गत लाभ प्रदान करपाक, रिण सुविधा, सामाजिक सुरक्षा प्रदान करपाक आनी बचत आनी गुंतवणूक वाडोवपाखातीर प्रमुख माध्यमा पैकी एक आसा.

Chavath – 110

देड दिसांच्या गणपतीचें काल  विसर्जन जाले . राज्यात चडश्या गणपतीचें विसर्जन देड दिसांनी करतात. गोंयभर गणपती विसर्जनाच्यो सुवातो निवळ करून विसर्जनाक गरज ती तयारी करून दवरिल्ली. चडश्या वाठारांनी तळयो , तळीं वा न्हयांनी गणपती विसर्जीत करतात. गणपती बाप्पा मोरया पुढच्या वर्षी लवकर या अशें म्हणत मातयेची मूर्त उदकांत विसर्जीत केली . BYTE

कांय वाड्यांचेर तिसाल आसता. म्हळ्यार दर तिसरे वर्सा गणपती पांच वा सात दिस दवरतात. चवथ हो गोयांतलो मुखेल उत्सव. कामा निमतान घरा भायर आशिल्ले गोंयकार ह्या निमतान गांवघरा येतात.आज सावन सार्वजनिक गणेश उत्सवाक लेगीत नेट येतलो . ह्या माटवांनी मन रिजवणेच्यो सांस्कृतिक कार्यावळी जावतल्यो. भजन , कीर्तन , मराठी आनी कोंकणी नाटकां तशेंच संगीत आनी नृत्य कार्यावळींचो तांतूत आसपाव आसा.

विसर्जन – 40

गणपतीचे विसर्जन करताना धोक्याची शक्यता गृहीत धरून अंदू दृश्टीचे जवान विसर्जन थळांचेर दवरपाचो निर्णय जाला. दर्यादेगांवेल्यो 35 सुवातो आनी हेर 12 मेळून 47 जाग्याचेर दृश्टीचे जीवरक्षक आसतलें. मिरामार, कळंगुट, बागा ह्या दर्यादेगांनी उदकात वचून बरेच जाण विसर्जन करतात. जीवरक्षक गणपती उदकात वरपाक मजत करतलें. तशेच धोक्याची कल्पना भाविकांक दितलें.

PIB –130

भारत सरकाराचे दूरसंचार खातें 3 सप्टेंबराक दक्षिण गोंयात मोबोर हांगा अस्तंत विभागाची एक दीस वर्सुकी सुरक्षा परिशद घडोवन हाडटा. हे परिशदेंत महाराष्ट्र, गुजरात, मध्य प्रदेश, छत्तीसगड, राजस्थान, गोंय, दादरा-नगर-हवेली आनी दमन आनी दीव ह्या राज्यांतले आनी केंद्र शासित प्रदेशातले दूरसंचार खात्याचे सुरक्षा यंत्रणा अधिकारी तशेंच केंद्रीय आनी राज्यस्तरीय कायदो अंमलबजावणी संस्था आनी दूरसंचार सेवा पुरवणदार हाजीर आसतले. टेलीकॉम नेटवर्क इंटेलिजेंसचे वाढते महत्व आणि कायदो अंमलबजावणी आनी सुरक्षा यंत्रणे वरवीं दूरसंचार आणि सायबर समन्वयाच्या साधनांचो प्रभावी वापर आदि संयत उदयोन्मुख सुरक्षा बाबींचेर ह्या परिषदेत लक्ष केंद्रित करतले.

Sushant – 70

आपल्या असामान्य प्रतिभेन कोंकणी नाटकाक नवी उंचाय दिवपी दिग्दर्शक म्हणून नामना मेळोवपी दिगंबर सिंगबाळ हांकां काल मरण आयलें. तांची पिराय ७१ वर्सां आसली. फाटलो कांय काळ ते दुयेंत आशिल्ले.
नामनेचे चित्रकार आनी नाटककार सिंगबाळ हे वेवसायान कला शिक्षक. पुंडलीक नायक हाचें "शबै शबै बहुजन समाज" हें नामनेचें नाटक सिंगबाळ हाणी दिग्दर्शीत केल्ले, जें कोंकणी नाटकांतलो एक मार्गदर्शक फातर अशे मानतात. नाटकाच्या मळार ताणी केल्ल्या वावराची दखल घेऊन गोय सरकारान 2013 वर्सा तांचो राज्य सांस्कृतीक पुरस्कार दिवन भोवमान केल्लो.

NSD 60

आयज राश्ट्रीय खेळां दीस. दर वर्सा 29 ऑगस्टाक हो दीस महान हॉकीपटू मेजर ध्यान चंद हाच्या जयंतीनिमित्त मनयतात. राष्ट्रीय खेळां दीस २०२५ चो विशय "शांततापूर्ण आणि समावेशक समाजांक प्रोत्साहन दिवपा खातीर खेळ". आसा खेळां आडमेळीं कशीं मोडूंक शकतात, संघटनात्मक वावर कसो वाडोवंक शकतात आनी प्रदेश, धर्म वा फाटभूंय हांच्या फरकां पलतडी वचून लोकांक कशे एकठांय हाडूंक शकतात ह्या विशयाचेर भर दिला.

स्पोर्ट्स 70

YMCA पणजीन आयोजित केल्या राज्य मानांकन टेबल टेनिस सर्तीत चंदन कारो इशिता कुलासो धीरज राय निझा कामत आणि रुहन शेख हाणी वैयक्तिक जेतेपद मेळयले

गोय खेळा आणि युवा वेव्हार खात्यावतीन आयोजित दक्षिण जिल्लो पातळेवेल्या 17 वर्सा सकयल्या बेडमिनटन सर्तीत फोंडा हाय स्कूल पगडान जैत जोडले तर सत्तरी तालुका पातळेवेल्या 14 वर्सा सकयल्या बेडमिनटन सर्तीत आणि 17 वर्सा सकयल्या बुद्धिबळ सर्तीत केरी सत्तरीच्या स्वामी विवेकानंद शिक्षण संस्थेच्या विवेकानंद न्यानमंदिर हायस्कूलच्या चल्याच्या गटान जैत जोडले

Weather – 40

हवामान खात्यान राज्यांत पावसाचो orange अलर्ट जारी केला. आज पणजेंत चडांत चड तापमान 28.4 degrees celcius आनी उण्यांत उणें तापमान 23.6 degrees celcius नोंद जालां. फाटल्या २४ वरात पावसाची नोंद १४६.२ मिमी जाल्या आणि राज्यात मुखावेळे काय दिस पावस पडपाचो अदमास वेधशाळेन उक्ताय्ला